Panaji National News

02 June 2026,6.30pm

## राष्ट्रपती

शिक्षण हें सशक्तीकरणाचें एक बळिश्ट साधन, कारण तातूंतल्यान व्यक्तींक आत्मनिर्भर, जागृत आनी सक्षम जावपाक मजत मेळटा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. आयज नवी दिल्लींत शिश्यवृत्ती येवजणेच्या आदिवासी लावाथ्यांक संबोधीत करतना राष्ट्रपती उलाय्ताल्यो ., समाजांतले सगळे वर्ग, भोवशिक, अर्थीक, शिक्षणीक नदरेन फुडें पावल्या उपरांत खरी उदरगत जावंक शकता. सरकारी शिश्यवृत्ती येवजण्यांनी उच्च शिक्षण आनी नयो संधी मेळोवन दिवन,आदिवासींच्या जिवितांत बदल घडोवन हाडला अशें ताणी मुखार सांगले . भारतांत प्रतिभेचो उणाव ना अशें राष्ट्रापती मुर्मू हांणी म्हटला. ती फुलपा खातीर योग्य मंच वळखुपाची, पोसवण करपाची आनी माची दिवपाची गरज आसा हाचेर राष्ट्रपतीनी भर दिलो.

## पंचायत पुरस्कार

फाल्यां नवी दिल्लींत राष्ट्रीय पंचायत पुरस्कार 2025 भेतोव्पाचो सुवाळो जातलो. देशभरांतल्या 42 उत्कृश्ट पंचायतींक हे पुरस्कार दितले.ह्या सुवाळया वेळार दीन दयाल उपाध्याय पंचायत सतत विकास पुरस्कार वर्गा खाला 34 ग्राम पंचायतींक आनी नानाजी देशमुख सर्वोत्तम पंचायत सतत विकास पुरस्कार वर्गातले आठ पंचायतिक पुरस्कार दितले..पुरस्कारप्राप्त पंचायतींचे मुखेली तांच्या सर्वोत्तम कार्यपद्धती आणि कामगिरीचेर सादरीकरण करतले .

## मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग

विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग आनी जर्मनीचा थुरिंजियाचो मंत्री-राष्ट्रपती मारियो व्हॉयगट हांणी आयज नवी दिल्लींत क्वांटम संचारण, फोटोनिक्स आनी उद्देग फुडारपणा खाला खोल तंत्रगिन्यानाच्या भागीदारीचेर भासाभास केली. भारत आनी जर्मनी हांचे मदीं विज्ञान, तंत्रगिन्यान, नवनिर्माण आनी लोकां मदल्या संबंदांत रुजल्ली घटमूट भागीदारी आसा अशें डॉ सिंग हाणी सांगला. ह्या संदर्भार उलयतना डॉ जितेंद्र सिंग हांणी मुखार सांगलें की, देश आयज संवसारांतली तिसरी व्हडली स्टार्टअप पर्यावरण प्रणालीची येजमानकी करता आनी जैवतंत्रगिन्यान , भलायकी जतनाय, उदका तंत्रगिन्यान, कृत्रीम बुद्धी आनी अंतरिक्ष तंत्रगिन्यानाच्या माध्यमांतल्यान आंतरराष्ट्रीय सहकार्याची म्हत्वाची संद दिता.

## अभिजित सिन्हा,

राष्ट्रीय महामार्ग इलेक्ट्रिक वाहन विभागाचे (NHEV) संचालक, अभिजित सिन्हा हाणी आयज सांगला कि , इलेक्ट्रिक आणि इलेक्ट्रॉनिक दृष्ट्या सक्षम महामार्गांच्या विकासा वरवी भारत स्मार्ट, कनेक्टेड आणि शाश्वत गतिशीलतेच्या नव्या युगाकडे वाटचाल करीत आसा.. नवी दिल्लीत आयोजित पत्रकार परिषदेत त्ये उलाय्ताल्ये .. भारताची इलेक्ट्रिक मोबिलिटी इकोसिस्टम मजबूत करपा वांगडाच गतिशीलतेची सुलभता, रस्ते सुरक्षा आणि लॉजिस्टिक्सची कार्यक्षमता सुधारप हो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा. अशे तानी मुखार सांगले. .

(ईडी)

अंमलबजावणी संचालनालय म्हटल्यार (ईडी)न  सलीम इस्मायल डोला आनी ताच्या वांगड्यांनी चलयल्ल्या विदेशी  संघटीत घूवळी वखता पदार्थांच्या वेपार सिंडिकॅटा आड मुंबय, सूरत, आंकलेश्वर आनी राजकोटांतल्या 20 सुवातींनी व्हड प्रमाणांत सोद कारवाय सुरु केल्या. . आतां मेरेन केल्ल्या चवकशेंतल्यान पूर्ववर्ती रसायनां खरेदी, मेफेड्रोन (एमडी) गुप्तपणान तयार करप, आंतरराज्य येरादारी आनी मादक वखदां वितरण, संबंधांत  आंतरराष्ट्रीय गुन्यांवकारी जाळें अस्तित्वांत आसा अशें दिसून आयलां. अमली पदार्थांची आंतरराष्ट्रीय तस्करी, हवाला चॅनेलवरवी  गुन्ह्यातून मेल्यील्ल्या  पैशांची वसुली आणि हस्तांतरण, तसेच साथीदार आणि हेर व्यक्तींच्या नावाचेर   मालमत्ता संपादन करप ह्या सारक्या गुन्ह्यांवांत  ते  गुंतलेले आसात .

## सूरसंगम

आकाशवाणी पणजी केंद्रा वरवी मेकनिझ प्यालेसच्या सभाघारांत 5 जुनाक सांज्ये4.३० वारांच्येर सूरसंगम  हि संगीत आनी  पारंपारिक नृत्याची कार्यावळ आयोजित केल्या. ह्या कार्यावलीन हिंदुस्थानी शास्त्रीय गायक डॉ. प्रवीण गावकर  आपली कला सदर करतले.माशेलच्या छत्रपती कला आनी सांस्कृतीक मांडला वरवी फुगडी सादर जातली. राया सासष्टी हागच्या एड्रियन सिक्वेरा  आनी संगात्यांची कातारांची कार्यावळ जातली. रसिकांनी कार्यावलीचो  आनंद घेवचो अश्ये आकाशवाणीन कळीत केला..

## क्रिकेट

बायला क्रिकेट सर्तींत , इंग्लंडच्या टाँटन हंगाच्या  कूपर असोसिएट्स काउंटी मैदानाचेर भारत आणि इंग्लंड ह्यः पंगडा मधी तिसरो  आणि निमणो  ट्वेंटी-२० आंतरराष्ट्रीय सामनो  जातलो. हो सामनो  भारतीय वेळेप्रमाण  राती  ११:०० वारांच्येर  सुरू जातलो..या आधी , यास्तिका भाटिया आणि जेमिमा रॉड्रिग्ज हांच्या अर्धशतकांच्या जोराचेर  भारतान चेम्सफोर्ड हागा मालिकेतलो  पयलो  सामनो  ३८ धावडयानी जिंकिलो .

## हवामान

भारतीय  हवामान खात्यान राजस्थान, गुजरात, अस्तंत मध्य प्रदेश, ओडिशा आनी दर्यादिगेवेल्या आंध्र प्रदेशाचेर दिसांतल्यान गडगड मारपाची  अदमास आशील्ल्यान  orang alert  जारी केला.. फाल्यां मेरेन कर्नाटक, केरळ, माहे, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडटलो असो अदमास हवामान एजन्सी कडल्यान उक्तायला..आय एम डीन फुडले दोन ते तीन दीस हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, छत्तीसगड, झारखंड, कोंकण आनी गोंय, लक्षद्वीप, महाराष्ट्र, रायलासीमा, सौराष्ट्र आनी कच्छ, तेलंगना, अस्तंत उत्तर प्रदेश हांचेर जोगला  आनी वादळी वारें तश्येच  गडगड मारपाचो   अदमास काडला.